National News

11.06.2025 @ 6.30 pm

Modi

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भर दिला की भारताच्या मुखावेल्या पिळगेन  मुळाव्या सुविधां खातीर प्रयत्न शाश्वतता आणि दीर्घकालीन दृष्टिकोनाचेर आधारित आसपाक जाय आनी स्वावलंबी भारताची बुन्याद रचता अशे सोशल मीडिया पोस्टत मोदी हाणी म्हणला. प्रधान मंत्र्यान म्हणले की मुळाव्या सुविधा क्रांतीक अकरा वर्षे जाल्यात जातुन उत्कृष्ट मुळाव्यो सुविधा जोडल्यात जाका लागुन भारताचो उदरगत मार्ग वाढला. रेल्वेपासून महामार्गां मेरेन बंदरां मेरेन, भारतात वेगान विस्तारपी मुळाव्या सुविधांचे जाळे जीवनमान सुलभ करता आणि समृद्धी वाड्यता अशे ताणी म्हळे

शाह

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हणला की, अकरा वर्षांच्या मुळाव्या क्रांतीत मोदी सरकारान एका फाटोफाट एक अभियांत्रिकी चमत्कार सादर करून भारताची पुनर्बांधणी केल्या  सोशल मीडिया पोस्टत शाह हाणी म्हणले की, नव्यान बां दील्या अत्याधुनिक मुळाव्या सुविधा प्रकल्पांनी लोकांक लागी हाडुनआणि व्यापार आणि वाणिज्य हाचो प्रचंड प्रवाह पयली केन्नाच पळोवंक नाशिला वेगान सक्षम करून देशाची एकता घटमुट केल्या

वैष्णव

केंद्रीय मंत्रीमंडळान रेल्वे मंत्रालयाच्या दोन प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या, जाचो वट्ट 6,405 कोटी रुपया खर्च जातलो. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, की ह्या दुप्पट प्रकल्पाक लागून 938 गांवांक आनी 15 लाख लोकसंख्ये कडेन जोडणी वाडटली.

सीबीआय

केंद्रीय अन्वेषण विभाग (सीबीआय) न एका सायबर गुनावकारी रॅकेटाचो पर्दाफाश केला आणि २.८ कोटी रुपयांची क्रिप्टोकरन्सी जप्त केल्या  चक्र-५ अंतर्गत सायबर गुन्याव गारी आडच्या त्यांच्या सततच्या मोहिमेचो भाग म्हणून तीन सुवातीनी छापे घालुन ही कारवाय केली.

कबीर

समाजीक समरसताये खातीर आपलें जिवीत ओंपपी म्हान कवी आनी समाजसुदारक संत कबीर दास हांकां आयज ताच्या जयंती दिसा प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी श्रद्धांजली ओपली.

मोदी

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज कल्याणकारी विकासा खातीर सरकारच्या अढळ समर्पणाची पुष्टी केली, आनी वेगवेगळया लोककल्याणकारी योजना चडानचड नागरिकां मेरेन पावतल्यो हाची खात्री केली. कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हांच्या सोशल मीडिया पोस्टक जाप दितना, मोदी हाणी या उपक्रमांच्या प्रभावीपणा आणि पावप जाल्या प्रशंसनीय वाढीचे कौतुक केले.

सलीम

आकाशवाणीचे आदले उर्दू खबरा वाचक सलीम अख्तर हांका आज नवी दिल्लीत काय तेपाच्या दुयेसा उपरांत मरण आयले. ते ७६ वर्षांचे आशिल्ले. सलीम अख्तर हे आकाशवाणीच्या वृत्त सेवा विभागाच्या उर्दू युनिट कडे सुमार २५ वर्षे जोडील्ले

बिर्ला

लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी आज लोकसभेचे आदले अध्यक्ष के.एस. हेगडे हांच्या जयंतीनिमित्त संविधान सदनात त्यांच्या फोटोवाक पुष्पांजली ओपली. राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश, खासदार, आदले सदस्य आणि लोकसभा आणि राज्यसभा सचिवालयातले वरिष्ठ अधिकाऱ्यांनीय तांका श्रद्धांजली ओपली. के.एस. हेगडे हांची व्यक्तिरेखा आशिल्ली पुस्तिकाय मान्यवरांक भेट म्हणून दिली.

रेल

फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारके सावन IRCTC च्या संकेतथळा वरवीं आनी ॲपा वरवीं आधारा कडेन आपले खातें प्रमाणीत केल्ल्या वापरप्यांकच तात्काळ तिकीट ऑनलायन बुक करपाक मेळटली अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. तात्काळ तिकीटांची निष्पक्ष आनी पारदर्शक उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर आनी प्रवाशांचें हितसंबंद राखपा खातीर हें पावल उबारलां. नव्या येवजणे प्रमाण अंदूं 15 जुलय सावन ऑनलायन तात्काळ बुकींग खातीर आधार आदारीत ओटीपी प्रमाणीकरण सक्तीचें थारतलें.

योग

२१ जूनाक जावपी आंतरराष्ट्रीय योग दिस २०२५ च्या पूर्वसंध्येक आज नवी दिल्लीत आकाशवाणी रंग भवन हांगा "कार्यस्थळार योग" कार्यशाळेचे आयोजन केल्ले. या सत्राचे अध्यक्षपदार डॉ. पुनीत चतुर्वेदी, सहाय्यक प्राध्यापक, आरोग्यवृत्त आणि योग विभाग, राष्ट्रीय आयुर्वेद संस्था, जयपूर आशिले.

वेदर

भारतिय हवामान खात्यान उत्तर प्रदेशा खातीर उश्णतायेची शिटकावणी दिल्या आनी जायत्या जिल्ह्यांनी तापमान 45 डिग्री सेल्सियस वयर पावला. उत्तर प्रदेशांत जायत्या जिल्ह्यांनी तापमान 45 अंश सेल्सियस लागीं पावलां. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण राज्याच्या दक्षिण भागांतल्यान येवपी उश्ण अस्तंत वाऱ्याचो प्रभाव अस्तंत आनी उदेंत उत्तर प्रदेशांत उश्णतायेच्या ल्हारांचो परिणाम जाणवता.